## सांस्कृतीक, युवा सृजन आनी ग्रंथालय पुरस्कांर 26 जानेवारीक भेटयतले

ता. 23 जानेवारी 2020

कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन दिवपात येवपी गोंय राज्य सांस्कृतीक पुरस्कांर, युवा सृजन पुरस्कांर आनी ग्रंथालय पुरस्कांर ता. 26 जानेवारी 2020 दिसा सांजवेळा 3.00 वरांचेर कला अकादमीच्या दिनानाथ मंगेशकर कला मंदीरात आयोजीत सुवाळ्यात भेटयतले. संगीत, नाट्य, तियात्र, लोककला, भजन, किर्तन, हस्तकला, साहित्य, चित्रकला अशा क्षेत्रात योगदान दिल्ल्या 13 युवा कलाकारांक पुरस्कार भेटयतले.

नामनेचे दोतोर आनी गोमंत विभुशण पुरस्कार जैतवंत डॉ. प्रेमानंद एस. रामाणी कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे आसतले. कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे कार्यक्रमाचे अध्यक्ष जाल्यार कला आनी संस्कृती सचिव श्री. चोखाराम गर्ग मानाचे सोयरे आसतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/63